Akashwani Panaji National news 8.40 am 21st  March 2026

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल बहरीनाचे  राजा हमद बिन ईसा अल खलीफा हांचे कडेन दूरध्वनी संवाद सादलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत प्रधानमंत्र्यांनी  अस्तंत आशियाई वाठारांतल्या सध्याच्या परिस्थितीचेर चर्चा केल्या आनी उर्जा आनी नागरी मुळाव्या साधनसुविधांचेर जाल्ल्या हल्ल्याचो निशेध केला आनी  संवसारीक अन्न, इंधन आनी सुरक्षेचेर ताचो वायट परिणाम स्पश्ट केला. प्रधानमंत्रयांनी  येरादारीचें स्वातंत्र्य सुनिश्चीत करपाचें आनी जहाज मार्ग उक्ते आनी सुरक्षीत दवरपाचें म्हत्व  सांगलें. तशेंच प्रधानमंत्री मोदी हांणी ईद उल फितराच्या निमतान परबी भेटयलया आनी बहरीनाचा  राजान आपल्या देशांतल्या भारतीय समाजाक सतत  आदार दिल्ल्या खातीर उपकार मान्ल्यात.

Eid

देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी आयज ईद-उल-फित्र मनयतात. ह्या निमतान पारंपारीक पोशाख घालून  लोक ईदगाह आनी मशिदींत ईद नमाज करतात.  नात्यांतल्यां लोकांक आनी इश्टांक भेट दिवन गोड पदार्थ वांटून घेतात आनी खोस उक्तायतात.दिल्लींत जामा मशिदी, फतेहपुरी मशिदी आनी शाही ईदगाह हांगा ईदा निमतान मुखेल कार्यावळी जातल्यो. हे निमतान सुरक्षेची विस्तारान वेवस्था केल्या.

**sparrow**

**काल जगभरान्त संवसरीक संवण्यांचो दिस  मनयलो.  सवण्यांचा उणया जालल्या आकड्या विशी जागृताय करपाखतिर  दर वर्सा 20 मारचाक हो दिस मनयतात. 2010 वर्स natural forever society of india आनी ecosystem action foundation ह्यांच्या जोडपालवान हो दिस मनोवपक सुरू केललो. byte**

**Pres**

**राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू आयज  तिसऱ्या दिसा, उत्तर प्रदेशांतल्या मथुरा जिल्ह्यांतल्या गोवर्धनांतल्या दंघाटी देवळांत भेट घेतल्यो . त्यो दिल्लीत  परत येवचे पयलीं पारंपारीक गोवर्धन परिक्रमा करतलयो . राष्ट्रपती मुर्मू  हांची हि उत्तरप्रदेशाची   राज्य भेट आयतारा अयोध्यांतल्या रामजन्मभूमि देवळाच्या दर्शनान सुरू जाली. ते उपरांत तांणी  इस्कॉन देवळांत आनी वृंदावनांतल्या प्रेम मंदिरांत प्रार्थना केली. तशेंच ह्या वाठारांत कॅन्सराची जतनाय घेवपाच्यो सुविधा घटमूट करपाचो हेतू आशिल्ल्या रामकृष्ण मिशन सेवाश्रमाच्या नव्या ऑन्कोलॉजी ब्लॉकाचेंय तांणी  उक्तावण केलें.**

**vp**

**उपराष्ट्रपती c p राधाकृष्णन आयज सावन दोन दिसांच्या महाराष्ट्राचा भेटीर आसतले . आयज आपल्या भेटीच्या पयल्या दिसा नागपूरच्या महर्षि व्यास सभाघरांत भारतीय युवा संसदेच्या 29व्या राष्ट्रीय अधिवेशनाच्या उक्तावण सुवाळ्याक ते  हाजीर रावपाचे आसात. ते रतन टाटा महाराष्ट्र राज्य कौशल्य विद्यापिठाच्या पयल्या दीक्षांत सुवाळ्याक आनी मुंबयंत जावपी**

चौसष्टाव्या  जैन दीक्षा सुवाळ्याक हाजीर रावतले . आपल्या भेटीच्या दुसऱ्या दिसा उप्राष्ट्रपती राधाकृष्णन पुण्यांतल्या निसरगोपाचार आश्रमाच्या स्थापणूक दीस कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात.

**sitaraman**

केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी काल नवी दिल्लींत आयकर कायदो, 2025 विशीं देशभरांतली जागृताय मोहीम ‘प्रारामभ 2026’ सुरू केली. प्रिंट, रेडिओ, दूरचित्रवाणी, , डिजिटल आनी सोशल मिडियाचो आस्पाव आशिल्लो हो मल्टीमीडिया उपक्रम फुडल्या म्हयन्याच्या पयल्या  तारखे सावन लागू जावपी नव्या कायद्याच्या मुखेल खाशेलपणां विशीं जागृताय करपा खातीर तयार केला. ह्या वेळार उलयतना मंत्री सीतारमन  हांणी , आयकर कायदो 2025 प्रमाण चुको, वाद आनी पालन खर्च उणो करता अशे सांगलें .

**MOU**

भारत आनी भूतान हांणी टपाल सहकार्या विशीं समन्वय पत्राचेर स्वाक्षरी केल्या, तातूंत इंडिया पोस्ट आनी भूतान पोस्ट हांचे मदीं सहकार्याची रचणूक केल्ली चौकटी दिल्या. टपाल कार्यावळी, तंत्रज्ञान उदरगत, क्षमता निर्माण, रसद जोडणी, आनी गिन्यानाचें आदान-प्रदान ह्या सारक्या वाठारांनी सहकार्याक चालना दिवपाचो ह्या संजिकायेच्या कबलातीचो  हेत आसा. टपाल खात्याच्या सचीवाच्या भूतान भेटी वेळार संचारण मंत्रालय आनी भूतानाच्या मुळाव्या साधनसुविधा आनी येरादारी मंत्रालय हांचे मदीं ही

कबलात जाल्ली . तशेंच इंडिया पोस्टाच्या विकसीत जावपी तंत्रज्ञान पर्यावरण प्रणाली कडेन संबंदीत अणभव आनी उत्तम पद्दती वांटून घेवपा सयत तंत्रज्ञान क्षेत्रांत सहकार्य खोलायेन करपाक दोनूय राश्ट्रांनी मान्यताय दिली

patil

केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी आर पाटील हांणी , हर घर जल हें सरकाराचें ध्येय भारतांतल्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकांच्या जिवितांत एक बळिश्ट साधन जावपाक लागलां अशे सांगला. काल जीवन मिशन 2.0 खाला गुजरात, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, छत्तीसगड आनी गोंय राज्यां कडेन समन्वय पत्राचेर स्वाक्षरी करपाचे व्हर्च्युअल अध्यक्षपद सांबाळटना मंत्री पाटील हांणी हें सांगलें. हर घर जल, हर ग्राम सुजल ह्या उद्देशान गांवगिऱ्या वाठारांनी स्वाभिमान, भलायकी आनी सशक्तीकरण वाडोवपाचो हेतू आशिल्ली लोककेंद्रीत चळवळ म्हणून जल जीवन मिशन उदेलां अशें तांणी ह्या संदर्भार उलयतना उक्तायलें. नळाच्या उदकाची पुरवण केल्ल्यान दिसपट्टें जिवीत चड सोयीचें जालां आनी ताका लागून बायलो उदक हाडपाच्या त्रासांतल्यानय मुक्त जाल्यात अशे तानी स्पष्ट केले.ह्या कब्लातीचो हेतू दरेका गांवगिऱ्या घरांक नेमान फावो त्या प्रमाणांत आनी पिवपाच्या उदकाची पुरवण मेळची हाची खात्री करपाचो आसा अशे तानी मुखार सांगला .

Lpg

अस्तंत आशियांतल्या विकसीत जावपी परिस्थितीचेर भारतान समन्वयात्मक आनी सक्रिय पद्दत आपणायल्या. वेगवेगळ्या मंत्रालयांच्या संयुक्त उपायांतल्यान सरकार देशभरांत उर्जेची पुरवण सुनिश्चीत करता, तेच बरोबर संग्रह, आनी विपणन

आडावपा खातीर योग्य ती पावलां उबारता. सगळ्यो शुध्दीकरण केंद्रां फावो त्या प्रमाणांत कच्च्या तेलाची सामुग्री घेवन चड क्षमतेन काम करतात हाचेर सरकारान भर दिला. एलपीजीच्या देशांतल्या उत्पादनांत सुमार 40 टक्क्यांनी वाड जाल्ल्याची नोंद पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान केल्या. इंधनाची उणीव जावंक ना अशें मंत्रालयान सांगलां आनी नागरिकांक भियेवन खरेदी करचे न्हय असोय सल्लो दिला.  सैमीक वायू क्षेत्रांत घरगुती आनी येरादारी खातीर प्राधान्य पुरवण सांबाळटात, जाल्यार उद्देगीक वापराचेर नियंत्रण दवरतात अशें मंत्रालयान सांगलें. एलपीजीचेर आदारून रावप उणें करपा खातीर सिटी गॅस डिस्ट्रिब्युशन कंपनी पीएनजी जोडणींचो प्रचार करतात अशें म्हणलां.

election

आसाम, केरळ, तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगाल ह्या चार राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या पुडुचेरी राज्यांतल्या विधानसभा वेंचणुके आदीं स राज्यांतल्या उपवेंचणुके वांगडाच इलॅक्ट्रॉनीक आनी डिजिटल माध्यमांतल्यान राजकी जायरातींचें नियंत्रण करपाचो आदेश वेंचणूक आयोगान जारी केला. ह्या आदेशा प्रमाण सगल्या राजकी पक्षांनी, उमेदवारांनी, व्यक्तींनी वा संघटनांनी लेगीत तांचीं जायराती उजवाडावचे पयलीं मान्यताय घेवची पडटा. प्रसार माध्यम प्रमाणीकरण आनी देखरेख समिती कडल्यान मान्यताय घेवची पडटली. टीव्ही, रेडिओ, भौशीक प्रदर्शन , ई-पेपर, बल्क एसएमएस, आनी सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर दाखयल्ल्या जायरातींक हो नेम लागू जाता.

**Tax**

**फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारखे सावन लागू जावपी येणावळ कर नेम 2026 विशी सरकारान अधिसुचोवणी दिल्या. नेमांची संख्या उणी करून कर प्रक्रिया सोपी करतना खर उक्तावणांतल्यान पालन वाडोवपाचो हेतू नव्या नेमांत आसा.**

**Imd**

**भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगाल , सिक्किम आनी ओडिशात , वादळा वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय उक्तायल्या आनी ऑरेंज अलर्ट जारी केला.**

**sports**

**Orleans मास्टर्स बॅडमिंटन सर्तींत आयज सांजवेळा फ्रांसांतल्या पॅलेस डेस स्पोर्ट्सांत जावपी बायलांच्या एकेरी सर्तीच्या उपांत्य फेरयेंत भारताची तनवी शर्मा अनि जपानाचे आदल्यो संवसारीक विजेतयो नोझोमी ओकुहारा हांचे मदी खेळ जातलो.**